**फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर प्रजासत्ताक दीस मनयलो**

ता. 26 जानेवारी 2020

प्रत्येक भारतीय नागरिकान देशाचो अभिमान बाळगून समाजात एकजूट राखपाची आनी आपले राज्य आनी देशाच्या उदरगतीक हातभार लावपाची गरज आसा, अशें कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी आयज फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर आयोजीत प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयले उपरांत उलयताना सांगले.

आमच्या भारतीय संविधानात प्रत्येक नागरिकाक समान हक्कांची आनी कर्तव्यांचीय तरतुद आसून प्रत्येकान आपल्या कर्तव्यांक पाळो दिवपाक जाय. आयच्या युवकांनी सुजाण जावन बरो मार्ग आपणावपाची गरज आसा. ज्या तरेन छत्रपती शिवाजी महाराजान रयतेच्या कल्याणाखातीर स्वराज्याची स्थापना केली आनी प्रशासन चलयले, ते प्रमाण आयच्या युवकांनी समाजाच्या कल्याणाखातीर फुडाकार घेवपाची गरज आसा, अशें श्री. गावडे हांणी सांगले.

ह्या वेळार वेगवेगळ्या शाळांच्या भुरग्यांनी देशभक्ती गीतां आनी सांस्कृतीक कार्यक्रम सादर केलो.

ह्या वेळार उपस्थितांमदी आदले मुख्यमंत्री आनी आमदार श्री. रवी नाईक, एनआरआय आयुक्त श्री. नरेंद्र सावयकार, फोंडेचे नगराध्यक्ष श्री. व्यंकटेश नाईक, उपनगराध्यक्ष श्री. विश्वनाथ दळवी, नगरसेवक रितेश नाईक, शांताराम कोलवेकर, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी अरविंद खुटकर, उपजिल्हाधिकारी केदार नाईक, स्वातंत्र्य सैनिक आनी नागरीकांचो आसपाव आशिल्लो.

श्री. गिरिष वेळगेकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/78